TRANSLATED COPY

(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी अणकार)

दिल्ली डॉमेस्टीक वर्कींग वुमेन्स फोरम

वि.

युनियन ऑफ इण्डिया आनी हेर

19 ऑक्टोबर1994

[भारताचे मुखेल न्यायमुर्ती एम.एन, वेंकटाचलैय्या, आनी मा. न्यायमुर्ती एस. मोहन आनी एस.बी. मजमुदार]

*भारताचें संविधान- अनुच्छेद 32- राष्ट्रीय बायलां आयोग अधिनेम 1990- कलम 10- बायलां आड गुन्यांव – वावराड्यांचेर लैंगीक अत्याचार – बायलांक पुनर्वसणूक आनी भरपाय दिवपी न्यायाची तजवीज करपाची गरज – अशे तरेचे येवजणेचो मसुदो तयार करपाक राष्ट्रीय बायलां आयोग – बलात्कार पिडेस्तांक मजत करपा खातीर व्यापक मापदंड - सुचयल्यात.*
*भारतीय दंड संहिता, 1860 कलम 376 बी आनी 341 – बलात्कार प्रकरणां- सद्याचे गुन्यांवकारी वेवस्थेंतले दोश – बलात्कार पिडेस्तांक मजत करपा खातीर व्यापक मापदंड दाखयले.*

रेल्वेंतल्यान प्रवास करताना लश्करी जवानांनी केल्ल्या अभद्र लैंगीक छळाक बळी पडिल्ल्या आदिवासी भागांतल्या चार घरगुती वावराड्यांचे दयनीय अवस्थेची बाजू मांडपाक याचिकादार दिल्ली डॉमेस्टीक वर्कींग वुमन्स फोरमाच्या सांगण्या वयल्यान ही जनहीत याचिका दाखल केल्ली. भारतीय दंड संहिता 376 हाचे सयत 341 कलमा खाला गुन्यांवां खातीर प्रथम माहिती अहवाल (एफ.आय.आर.) नोंद केल्लो.
अशा हिंसाचाराच्या गुन्यांवांक बळी पडिल्ल्यांक लुकसाण भरपाय दिवपाक आनी तांचें पुनर्वसन करपा खातीर एक योग्य येवजण तयार करपाक जाय अशें याचिकादारान प्रस्तावीत केलां. राष्ट्रीय बायलां आयोगाक अशे येवजणेचो मसुदो तयार करपाच्या वावरांत सामील जावपाक निमंत्रीत करूंक जाय, अशी विनवणी केल्ली.

हाका विरोध करताना प्रतिवादीन म्हणलें, राष्ट्रीय बायलां आयोग अधिनेम 1990 च्या प्रकरणांत थारायिल्लीं राष्ट्रीय आयोगाचीं कामां मतींत घेवन आयोगान योग्य येवजण्यो आनी उपाय तयार करपाक स्वताक गुंतवपाक जाय ही मागणी, राष्ट्रीय आयोगाक दिल्ल्या निर्देशा भायली आसा.

ह्या न्यायालयान, हो खटलो निकालांत काडटना

निर्णय दिलोः हालींच्या काळांत बायलां आड जावपी हिंसाचार वाडिल्ल्यान गंभीर हुस्को निर्माण जालो. ही दुर्दैवाची गजाल आसा. बलात्काराक लागून खरेंच फौजदारी न्याय वेवस्थेच्यो साबार समस्या उप्रासतात. असल्या गुन्यांवांक कडक ख्यास्त दिवची अशी मागणी आसता, पूण खूब वेळार असली मागणी पिडेस्ताचें खरें दुख्ख लिपोवन दवरता. बलात्कार हो पिडेस्ताच्या जिविताची बुन्याद हालोवपी अणभव आसता. बलात्काराच्या आघाता वांगडा पिडेस्तांक कार्यवाही वेळार आनीक त्रास सोंसचो पडला. [534-ई– एफ]

1.2 सद्या गुन्यांवकारी वेवस्थेंतले दोश मतींत घेतल्यार, मुखेलपणान कागाळी वयल्या वयर हाताळटातआनी तांचेकडेन जाय तशें लक्ष दिनात; खुबशे फावट पिडेस्तांक पुलिसां कडल्यान अपमानीत जावचें पडटा. पिडेस्तांक बलात्काराच्या खटल्यांचो सदांच त्रासदिणो अणभव मेळ्ळा; न्यायालयांत साक्ष दिवपाचो अणभव नकारात्मक आनी विध्वंसक थारला; हीअग्नीपरिक्षा बलात्कारा परस चड त्रासदायक आसता, अशें पिडेस्त म्हणटात; न्यायालयाच्या कार्यवाहींनी बलात्काराक लागून तांणी सोंशिल्ल्या त्रासांत भर घातल्या हातूंत दुबाव ना; बलात्काराच्या पिडेस्तांक आदार दिवपाक व्यापक मापदंड तयार करप गरजेचें आसा. ते म्हणल्यार : (534 – जी – एच, 535, एच)

1) लैंगीक अत्याचार प्रकरणांतल्या कागाळींक कायदेशीर आदार दिवपाक जाय. तो गुन्यांवकारी न्याय वेवस्थेचो बरी वळख आशिल्लो असो कोणूय आसप म्हत्वाचें आसा. पिडेस्ताच्या वकिलाची भुमिका फकत पिडेस्ताक कारवायेचें स्वरूप स्पश्ट करप, तिका खटल्या खातीर तयार करप, पुलीस स्टेशनांत आनी न्यायालयांत तिका मजत करप, इतलीच न्हय, तर हेर संस्थांकडल्यान वेगवेगळया स्वरुपाची मजत कशी मेळूं येता हाचे विशीं मार्गदर्शन दिवप, देखीक, मानसीक समुपदेशन आनी वैजकी सहाय्य. पुलीस स्टेशनांत कागाळ करपी व्यक्तीची देखरेख करपी, कागाळीची दखल घेवपी व्यक्तीच प्रकरण सोंपमेरेन तिचें प्रतिनिधित्व करता हाची जतनाय घेवन मदत करपाचें सातत्य दवरप म्हत्वाचें आसा.

2) पुलीस स्टेशनार कायदेशीर सहाय्य दिवपाक जाय, कारण लैंगीक अत्याचाराक बळी पडिल्ली व्यक्ती खूब अस्वस्थ स्थितींत आसूं येता. पुलीस स्टेशनार तिची चवकशी करताना वकिलाचें मार्गदर्शन आनी तेंको तिका व्हड आदार थारतलो.

3) पिडेस्ताक कसलोय प्रस्न विचारचे पयलीं तिच्या प्रतिनिधित्वाच्या हक्काची माहिती दिवपाचें काम पुलिसांनी करपाक जाय. पिडेस्ताक तशी माहिती दिल्या अशें पुलीस अहवालांत नमूद करूंक जाय.

4) ज्या पिडेस्तांचो विशिश्ट वकील थारिल्लो नासता वा जांचो स्वताचो वकील उपलब्ध नासता, अशा प्रकरणांनी काम करूंक तयार आशिल्ल्या वकिलांची वळेरी पुलीस स्थानकांत दवरूंक जाय.

5) पुलिसांनी बेगोबेग सोयीस्कर खिणाक अर्ज केल्यार न्यायालयान वकिलांची नेमणूक करची, पूण चड कळाव करिनासतना पिडेस्तांची चवकशी जावची हे खातीर, न्यायालयाची रजा मागचे पयलीं वा मेळचे पयलीं वकिलांक पुलीस स्टेशनार कारवाय करपाचो अधिकार आसतालो.

6) बलात्काराच्या सगळ्या खटल्यांनी गरजे प्रमाणें पिडेस्ताची वळख गुप्त राखपाक जाय.

7) भारतीय संविधानाच्या अनुच्छेद 38 (1) खाला आशिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांचो विचार करून फौजदारी पात्र जखमांचें लुकसाण भरपाय मंडळ स्थापन करप गरजेचें आसा. बलात्कार पिडेस्तांक जायते फावट व्हड प्रमाणांत अर्थीक लुकसाण जाता. देखीक, चड आघातग्रस्त जाल्ल्यान रोजगार चालू दवरूंक शकना.

8) गुन्यांवकारांक दोशी थारायल्या उपरांत फौजदारी पात्र जखमांचें लुकसाण भरपाय मंडळा वरवीं ख्यास्त जाल्या काय ना हाचेर न्यायालयान लुकसाण भरपाय दिवची. गुरवारपणांत पिडेस्तांक जावपी दुख्ख, धपको, बाळंतपणान जावपी रोजगाराचें लुकसाण तसोच बाळंतपणाच्या खर्चाचो विचार मंडळ करतलें.

1.3 राष्ट्रीय बायलां आयोग अधिनेम 1990 च्या कलम 10 च्या तरतुदींचो विचार करून दुर्दैवी पिडेस्तांचे त्रास कमी करपा खातीर आयोगाक येवजण तयार करची पडटली. अशी येवजण न्यायनिवाडो दिल्ल्या दिसा सावन 6 म्हयन्यां भितर तयार करची. ते उपरांत भारत सरकार तपासणी करून बेगिनांतल्या बेगीन येवजणेची अंमलबजावणी करपा खातीर आवश्यक पावलां उखलतलें.

गुन्यांवकारी मूळ अधिकारक्षेत्र : रीट याचिका ( सी. आर. एल) क्र. 1993 चो 362

( भारताच्या संविधानाच्या कलम 32 खाला)

याचिकादारा खातीर आर. वेंकटरमणी आनी एस. एम.गर्ग

प्रतिवादीं खातीर अल्ताफ अहमद, अतिरिक्त सोलीसीटर जनरल, वी.सी. महाजन, क्रिशन महाजन, अनील कटीयार आनी एस. एन. तेरडोल, ए. एस.पुंडीर, पी. प्रसाद आनी एन. सुधाकरन

न्यायालयान न्यायनिर्णय दिलो.

मोहन, जे. हे जनहीत याचिकेंत,चार घरगुती वावराड्यांचेर सात लश्करी जवानांनी लैंगीक अत्याचार प्रकरणांत,याचिकादार दिल्ली डॉमॅस्टीक वर्कींग वुमन्स फोरमाचे विनंती वयल्यानभारतीय संविधानाच्या कलम 32 च्या सौम्य तरतुदींचो वापर केला.

फिल्मी फाटभूंय आशिल्ले हे घडणुकेन सिनेमांक लेगीत फाटीं उडयल्यात. 10 फेब्रुवारी 1993 दिसा उषा मिन्झ, शांती, जॉस्फीन केरकेट्टा, रोझी केरकेट्टा, नीली आनी लिली ह्यो स घरगुती वावराड्यो मुरी एक्सप्रेसीन प्रवास करताल्यो. हो प्रवास रांची ते दिल्ली मेरेन आशिल्लो. पिडेस्तां मदल्या कुमारी लिलीन हे घडणुकेचें वर्णन अशे तरेन केलां.

“हांव म्हज्या मूळ गांवांतल्यान दिल्लीक मुरी एक्सप्रेसीन येतालें. 10-02-1993 दिसा रातच्या 11.00क मुरी एक्सप्रेस खुर्जा रेल्वे स्टेशनार आसली. त्या वेळार, हांव म्हज्या गांवांतल्या 1) उषा मिंझ, जॉन मिंझ हाची चली 2) शांती सिरी, अनुस मिन्झ हाची चली 3) जोस्फीन केरकट्टा, जुनस केरकट्टाची चली 4) रोझी केरकट्टा, रेमीस केरकट्टाची चली 5) निली रॉस, पि. बोअस मिंझ हाची चली, ह्या सगळ्या चलयां वांगडा एस. एच. आय. डब्यांतल्यान प्रवास करतालें. हांव आसन (बर्थ) 50 चेर न्हिदलें. आमची इश्टीण शांती जागें जालें आनी ताणें सांगलें की, कांय लोक ताका चाळयताले. हांव आनी म्हज्यो हेर इश्टिणी उठल्यो तेन्ना आमकां दिसलें की, सुमार 7-8 लश्करी जवान आमच्या लागीं आयिल्ले. मागीर आमी सगळ्यो इश्टिणी उठून आपआपल्या जाग्यांचेर बसल्यो. उपरांत ते सगळे लश्करी जवान आमचो विनयभंग करपाक लागले. पयली त्या दोन सीख आनी 6 नितळ दाडी केल्ल्या दादल्यांनी म्हाका आनी म्हज्या पांच इश्टिणींक सकयल्या सीटांचेर बसयलींआनी आमचें चुंबन घेतलें आनी आमकां वेंग मारली आनी आमच्या शरिराक आनी स्तनांक स्पर्श करपाक लागले. आमी विरोध केलो तेन्ना तांणी आमचे केंस धरले आनी आमकां मारपाक सुरवात केली. आमी रडपाचो प्रयत्न केलो तेन्ना तांणी आमचीं तोंडां बंद केलीं. तांणी म्हाका आनी म्हज्या इश्टिणींक धमकी दिलीकी,जर आमी आडुलीं जाल्यार ते आमकां धांवते ट्रेनींतल्यान भायर उडयतले आनी जितेच मारतले. हें आयकून आमी भियेलीं आनी थंयच बसलीं. त्या 8 लश्करी दोन सीख आनी 6 नितळ दाडी केल्ल्या दादल्यां मदल्या एक सरदार आनी एक नितळ दाडी केल्ल्या दादल्यान म्हाका बळजबरीन सकयल्या सीटाचेर (बर्थ) न्हिदयलें. आनी दुसऱ्या बाजूक सकयल्या सीटाचेर दुसऱ्या सरदारान दुसरे चलयेक व्हेलें. आनी एका नितळ दाडी केल्ल्या जवानान रोझीक बाथरूमांत व्हेलें. आनी दोन लश्करी जवानांनी शांतीक कुशीच्या सीटाचेर न्हिदपाक लायलें. आनीक दोन व्यक्तींनी उषा आनी निलीक व्हरपाचो यत्न केलो, पूण ती दोगांय सीटा सकयल लिपोवन बसलीं. ताचे उपरांत पयलो सरदार फौजी (जाचें नांव धीर सिंग, पुरण सिंग हाचो चलो, पीओ : दोस्तपूर, पीएस : कलनोर, जिल्लो गुरूदासपूर (पंजाब) अशें न्यायालयांत सांगलां, ताणें बळजबरीन म्हजे कपडे आनी अंतवस्त्र काडलें आनी म्हजेर बलात्कार केलो. ताचे फाटल्यान आनी एक नितळ दाडी केल्लो सैनीक, जाचें मुखामळ गोल आनी उंची 5’ 8” आसा, ताणें लेगीत म्हजेर बलात्कार केलो. उरिल्ल्या लश्करी सैनिकांनी शांती आनी रोझीचेर बळजबरीन बलात्कार केलो. त्या उपरांत आमी पुलिसां कडेन कागाळ करपाचो प्रयत्न केलो, पूण कोणेंच आमचें आयकून घेतलें ना. जेन्ना रेल्वे नवी दिल्ली रेल्वे स्टेशनार रावली तेन्ना हांवें आनी म्हज्या इश्टिणींनी त्या लोकांक धरपाचो यत्न केलो. ते सगळे देंवले आनी हेवटेन तेवटेन धांवले. पूण, हांवें आनी म्हज्या इश्टिणींनी,जाणें म्हजेर बलात्कार केल्लो त्या वयर उल्लेख केल्ल्या सरदार धीरसिंग

हाकाधरलो. आमी सगळ्यांनी ताका धरलो. मदल्या वेळार, कांय लोक थंय जमले. लश्कराच्या कांय अधिकाऱ्यांनी आनी पुलिसांनी ताचेर ताबो मेळयलो आनी ताका एम. सी. ओ. कार्यालयांत व्हेलो, ते उपरांत कांय वेळान ते रेल्वे स्टेशनाचेर आयले आनी सरदार धीरसिंग हाका तुमचे कडेन सुपूर्द केलो. सरदार धीरसिंगान म्हजेर बलात्कार केला आनी ताच्या सहकाऱ्यांनी म्हज्या इश्टिणींचेर बलात्कार केला.

हें भारतीय दंड संहितेच्या कलम376 बी 341 खाला गुन्यांवां खातीर प्रथम माहिती अहवालाच्या आदारान तयार केलां, जें 11 फेब्रुवारी 1993 दिसा सकाळीं 6.35 साक पुलीस स्टेशन नवी दिल्ली रेल्वे स्टेशन (गुन्यांव आनी रेल्वे) नोंदणी क्र. 049/ 1993 म्हणून नोंद केलां. अहवाल नोंदणी उपरांत त्या स बलात्कार पिडेस्तांक वैजकी तपासणी खातीर धाडलीं.

पिडेस्तांक मेळपा खातीर याचिकादार- फोरमाच्यावांगडी पुलिसांनी दिल्ल्या नाम्यांचेर पंगडानी गेले. मालक बलात्काराची माहिती दितना पिडेस्त तांच्या वांगडा आसले तरी पूण खंयच्याच जाग्यार पिडेस्तांक मेळपाक दिलें ना. पिडेस्त मंचाचे वांगडी आशिल्ल्यान तांकां गरजे प्रमाणें समाजीक, संस्कृतीक, आनी कायदेशीर संरक्षण मेळोवन दिवपाक याचिकाकर्तो आशिल्लो मंच खूब चिंतेस्त आसा. पिडेस्त बायलां मालक आनी पुलिसांचे दयेचेर जगपी बिहार राज्यांतलीं लाचार आदिवासी बायलां आसात. तांकां धमकावपाचो धोको आसा. बायलांचे कुडीचेर आनी प्रतिश्ठेचेर अशे तरेचो निर्दयी हल्लो जाता तरी लेगीत, बायलांक पुनर्वसणूक आनी लुकसाण भरपाय दिवपी न्यायाची तजवीज करपाचे गरजेकडेन, केंद्र सरकार वा राज्य सरकारान कसलेंच गंभीरतायेन लक्ष दिल्लें ना. अशा प्रकरणांनी न्यायालय मजत करीत आसा. ह्या संदर्भांत भारताच्या संविधानाच्या 32 खाला रीट याचिका दाखल केल्या. रीट याचिकेचे मुद्दे सकयल दिल्ल्या प्रमाणें :

त्वरीत न्यायचवकशी ही एक कायद्याची गरज आसा.  अशे तरेच्या प्रकरणाचे बाबतींत न्यायचवकशी लांबयल्यार दीर्घकाळ प्रलंबीत जावंक शकना. ते खातीर ह्या न्यायालयान प्रकरणाचे अंमलबजावणेचे आनी तपासणेचे निकर्श स्पश्ट करचे पडटले, नाजाल्यार संविधानाचीं कलमां14 आनी 21 खाला हमी दिल्लो अधिकार अर्थहीन थारतलो.

ह्या न्यायालयान 18-11-1993 दिसा प्रतिवादीक आदेश दिलो.

प्रतिवादी क्रमांक 2 आनी 4 चे वतीन प्रति-प्रतिज्ञापत्र दाखल केलां, तातूंत म्हणलां, कुमारी लिलीचे जापेप्रमाणें, भारतीय दंड संहिता कलम 376 ब, सह कलम 34 सयत प्रथममाहिती अहवाल क्रमांक 042/93 नोंद केला. आरोपी धीरसिंग हाका अटक केली आनी न्यायालयाच्या बंदखणींत धाडलो. धीरसिंग आनी मिखाईल हेरंज ह्या आरोपींच्या आड 13-08-1993 दिसा मुखेल न्यायदंडाधिकारी अलीगड हांच्या न्यायालयांत फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या कलम 173 खाला सदर प्रकरणाचो अहवाल दाखल केला. ह्या प्रकरणाची सुनावणी जिल्लो आनी सत्र न्यायालय अलिगड हांगा प्रलंबीत आसा.

ह्या दोन आरोपींशिवाय हेरांची वळख पटिल्ली ना. फरसेम सिंग आनी बी. काजूर ह्या दोन अन्य आरोपींची निर्दोश मुक्तता जाली. हेड कॉन्स्टेबल रणजीत, कॉन्स्टेबल नरेश सिंग,आनी कॉन्स्टेबल शिवस्वरूप सिंग ह्या तीन पुलीस कर्मचाऱ्यांक अटक केली, कारण ते घडणुके वेळार मुरी एक्सप्रेस ट्रेनींत सुरक्षेच्या कामाचेर ते आशिल्ले आनी तेआदीवासी बायलां पिडेस्तांक आवश्यक संरक्षण पुरोवपाक अपेशी थारले. खटलो चालू आसा आनी हें प्रकरण दाखल जावपाची शक्यताय आसा अशें सांगलां.

खटल्याच्या एका टप्प्यार, पिडेस्तांचो सोद घेवपाक मेळना अशी माहिती न्यायालयाक दिल्ली. ह्या विधाना खातीर आमचेभितर निर्शेणी निर्माण जाली. ते खातीर, पिडितांचो सोद घेवपाचो आदेश उत्तर प्रदेश राज्याक दिल्लो. ह्या प्रकरणांत पुलीस गंभीर आसा काय, असो दुबाव न्यायालयान व्यक्त केल्लो. आमच्या बाजून आमी ही बेफिकीर वृत्ती सहन करपाक शकलेना. सुदैवान पिडेस्तांचो सोद लागलो. ते खातीर आमकां दिसता की खटलो योग्य ते काळजीन सुरू जातलो आनी कायद्याक आपलो वावर करपाक दिवचो.

हें प्रकरण अशें आसलें तरी, 1 ते 3 प्रतिवादींनी अशा हिंसाचाराच्या गुन्यांवांत पिडेस्तांक लुकसाण भरपाय आनी पुनर्वसन दिवपाक योग्य येवजण तयार करपाक स्वताक गुंतोवपाक जाय अशी याचिकाकर्त्यांची विनवणी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसाः

बायलांच्या संबंदान तरेतरेच्या कायद्यांतल्या बदलांचें मुल्यांकन आनी सुचोवण्यो हातूंत राष्ट्रीय बायलां आयोग योग्य तरेन गुंतिल्लो आसा. तरी पूण अशा हिंसाचाराच्या गुन्यांवांक बळी पडपी पिडेस्तांक न्याय मेळोवन दिवपाक लुकसाण भरपाय आनी पुनर्वसणुके खातीर पावलां उबारपाची गरज आसा. अशा हिंसाचाराक बळी पडपी चडशे लोक समाजांतल्या दुर्बळ घटकांतले आसतात. ते दिवाणी न्यायालयाच्या माध्यमांतल्यान न्याय मेळपाचे स्थितींत ना. भारतीय दंड संहिता आनी भारतीय पुरावो कायद्यांत सुदारणां केल्या हातूंत दुबाव ना. अशें आसून लेगीत, अशा हिंसाचाराच्या पिडेस्तांक न्याय मेळोवन दिवपाक फावो तो उपाय मेळना. ते खातीर, पयलो प्रतिवादी- राष्ट्रीय बायलां आयोगाक अशे येवजणेचो मसुदो तयार करपाचे प्रक्रियेंत स्वताक गुंतून दवरपाक आनी जाता तितल्या बेगीन येवजण तयार करपाक भारत सरकाराचेर दबाव हाडपाक आवाहन करपाक जाय.

तिसऱ्या प्रतिवाद्यान हे भुमिकेक विरोध केलो. अशे सांगलां की, राष्ट्रीय बायलां आयोगाची स्थापना राष्ट्रीय बायलां आयोग अधिनेम 1990 (हाच्या उपरांत 'अधिनेम' म्हण उल्लेख जातलो) वरवीं केल्या. अधिसुचोवणी क्र. एसओ 99 (इ) तारीख 31- 01-1992 प्रमाणें हो कायदो 31-01-1992 दिसा चालीक लागलो. ह्या अधिनेमाच्या प्रकरणांत आयोगाचीं कार्यां नेमून दिल्यांत. आयोगान योग्य येवजण्यो आनी उपाय तयार करपांत स्वताक गुंतोवप हें राष्ट्रीय बायलां आयोगाक दिल्ल्या आदेशा भायर आसा.

आमी वयल्या गजालींचो बारीकसाणेन विचार केला. हालींच्या काळांत बायलां वयल्या हिंसाचारांत वाड जाल्या ही खरेंच दुर्दैवाची आनी चिंता वाडोवपी गजाल आसा. बलात्कारा खातीर फौजदारी न्यायवेवस्थे मुखार खऱ्यांनीच चड समस्या निर्माण जातात. खर ख्यास्ती खातीर मागण्यो करतात, पूण अश्या मागण्यां खातीर पिडेस्तांची खरी दुर्दशा जाता. बलात्कार हो असो अणभव आसा, जो पिडेस्तांचे जिणेची बुन्याद हालोवन उडयता. जायत्या जाणांचेर ताचो परिणाम दीर्घकाळ जाता, जाका लागून तांची वैयक्तीक संबंदाची तांक इबाडटा, तांची वागणूक आनी मुल्यां बदलतात आनी निरंतर भंय निर्माण जाता. बलात्काराचो आघात जावपा वांगडाच, पिडेस्तांक कायदेशीर कारवाये वेळार आनीक त्रास सोंसचो पडटा.

आमी फकत अस्तित्वांत आशिल्ले वेवस्थेंतले दोश दाखोवन दितले. पयली गजाल म्हणल्यार, कागाळी घाळपणान हाताळटात आनी गरजेप्रमाण तांचे कडेन लक्ष दिनात; पिडेस्तांक चडशे फावटी पुलीस अपमानीत करतात. पिडेस्तांक सदांच बलात्काराच्या खटल्यांचो दुख्खदायक अणभव येता. तांचो न्यायालयांत पुरावो दिवपाचो अणभव नकारात्मक आनी विध्वंसक जाला. ही अग्नीपरिक्षा बलात्काराचे प्रत्यक्ष स्थिती परस वायट आशिल्ली. न्यायालयाची कारवाय बलात्कारा परस चड त्रासदायक आसता, अशें पिडेस्त म्हणटात. पिडेस्तांक भोगचे पडिल्ल्या मानसीक त्रासांत, तणावांत भर पडली हातूंत दुबाव ना. जेनीफर टेमनीकच्या 'मॉडर्न लिगल स्टडीज', रेप ऍण्ड द लीगल प्रॉसॅस, 1987 आवृत्ती, पान 7 हातूंत नमूद केल्ल्या प्रमाणें
"लैंगीक अत्याचारा विशीं बचाव पक्षाचे वकील आनी न्यायाधिशांच्या वृत्तींतूय पुरायपणान बदल जावपाची गरज आसा. न्यायाधिशां खातीरच्या सततच्या शिक्षणीक कार्यक्रमांनी लैंगीक अत्याचारा विशीं आनी पुनर्शिक्षणाचो आसपाव आसचो. हे तरेच्या गुन्यांवा विशीं विचार करपाचे नवे मार्ग तयार करूंक मूळ कायद्यांतले बदल उपेगी थारूंक शकतात".

केल्ली रीट :

"पुलीस अधिकाऱ्यां कडल्यान चड लुकसाण भरपाय आनी वैयक्तीक वागणूक मेळची म्हण सगळ्यांची मागणी आसता. पिडेस्तांनी टिप्पणी केल्ली की, अधिकाऱ्यांक हाताळपा खातीर जायतीं प्रकरणां आसतात हें खरें आसलें तरी तांकां दिसलें की, अधिकारी तांच्या विशिश्ट प्रकरणा विशीं आनी आघाताविशीं फावो ती दखल घेनात. शॅपलॅण्डान असो निश्कर्श काडलाः

> "पिडेस्तांचे सद्याचे अपेक्षे कडेन चड लागींच्यान अदमास काडपा खातीर गरजेचे गुन्यांवकारी वेवस्थेंत जावपी बदल हे व्हड वा संरचनात्मक ना. ते मुखेलपणान मनोवृत्ती विशयक आसात. गुन्यांवकारी न्याय वेवस्थेंतल्या वेवसायीक वांटेकारांक प्रशिक्षण दितात की पिडेस्तांक शिश्टाचारान वागणूक दिवची, प्रक्रियेच्या सगळ्या पांवड्या विशीं माहिती दिवची आनी सल्लो दिवचो. तातूंत पिडेस्तांक समान भागीदार म्हण वागोवपाचो आसपाव जाता......हातूंत वेवसायीक वांटेकारांच्या कामाचे पद्दतीन बदल जावं येता म्हणून सुरवेक चड काम, चड अडचण आनी चड यत्न करचे पडूं येता, पूण ताका लागून तपास सोंपो

**करप, खटल्याच्या पुराव्यांचो उंचेलो दर्जो आनी न्यायालयांत उण्या प्रमाणांत खटले येवप हांचो आसपाव आसूं येता".**

**ओ'रेली मनोवृत्ती प्रशिक्षणाचेर अशे तरेन भर दिता:**

**"आमी आतां पिडीत प्रधान जाल्यात आनी उलोवपाक आनी संवाद सादपाक - वकील, दोतोर, परिचारिका, समाजीक कार्यकर्ते, रेप क्रायसीस सॅण्टर कर्मचारी हे सारकिल्लें पुराय सहकार्य नॅटवर्क मेळोवपा खातीर सक्रीय भुमिका घेतल्या...... मागीर आमी लैंगीक अत्याचाराक बळी पडिल्ल्यांक आनी तांचें जिवन परत सुरळीत करपाक मदत करपी, आमकां सगळ्यांक एकठांय हाडपी, मुळाव्या ध्येयाचेर पुरायपणान लक्ष केंद्रीत करपाचे स्थितींत आसात".**

हे फाटभुंयेचेर, बलात्कार पिडेस्तांक सहाय्य करपांत विस्तृत मापदंड थारावपाची गरज आसा अशें आमकां दिसता.

1) लैंगीक अत्याचार प्रकरणांतल्या कागाळींक कायदेशीर आदार दिवपाक जाय. तो गुन्यांवकारी न्याय वेवस्थेची बरी वळख आशिल्लो असो कोणूय आसप म्हत्वाचें आसा. पिडेस्ताच्या वकिलाची भुमिका फकत पिडेस्ताक कारवायेचें स्वरूप स्पश्ट करप, तिका खटल्या खातीर तयार करप, पुलीस स्टेशनांत आनी न्यायालयांत तिका मजत करप, इतलीच न्हय, तर हेर संस्थांकडल्यान वेगवेगळया स्वरुपाची मजत कशी मेळूं येता हाचे विशीं मार्गदर्शन दिवप, देखीक, मानसीक समुपदेशन आनी वैजकी सहाय्य. पुलीस स्टेशनांत कागाळ करपी व्यक्तीची देखरेख करपी, कागाळीची दखल घेवपी व्यक्तीच प्रकरण सोंप मेरेन तिचें प्रतिनिधित्व करता हाची जतनाय घेवन मदत करपाचें सातत्य दवरप म्हत्वाचें आसा.

2) पुलीस स्टेशनार कायदेशीर सहाय्य दिवपाक जाय, कारण लैंगीक अत्याचाराक बळी पडिल्ली व्यक्ती खूब अस्वस्थ स्थितींत आसूं येता. पुलीस स्टेशनार तिची चवकशी करताना वकिलाचें मार्गदर्शन आनी तेंको तिका व्हड आदार थारतलो.

3) पिडेस्ताक कसलोय प्रस्न विचारचे पयलीं तिच्या प्रतिनिधित्वाच्या हक्काची माहिती दिवपाचें काम पुलिसांनी करपाक जाय. पिडेस्ताक तशी माहिती दिल्या अशें पुलीस अहवालांत नमूद करूंक जाय.

4) ज्या पिडेस्तांचो विशिश्ट वकील थारिल्लो नासता वा जांचो स्वताचो वकील उपलब्ध नासता, अशा प्रकरणांनी काम करूंक तयार आशिल्ल्या वकिलांची वळेरी पुलीस स्थानकांत दवरपाक जाय.

5) पुलिसांनी बेगोबेग सोयीस्कर खिणाक अर्ज केल्यार न्यायालयान वकिलांची नेमणूक करची, पूण चड कळाव करिनासताना पिडेस्तांची चवकशी जावची हे खातीर,

न्यायालयाची रजा मागचे पयलीं वा मेळचे पयलीं वकिलांक पुलीस स्टेशनार कारवाय करपाचो अधिकार आसतालो.

6) बलात्काराच्या सगळ्या खटल्यांनी गरजे प्रमाणें पिडेस्ताची वळख गुप्त राखपाक जाय.

7) भारतीय संविधानाच्या अनुच्छेद 38 (1) खाला आशिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांचो विचार करून फौजदारी पात्र जखमांचें लुकसाण भरपाय मंडळ स्थापन करप गरजेचें आसा. बलात्कार पिडेस्तांक जायते फावट व्हड प्रमाणांत अर्थीक लुकसाण जाता. देखीक, चड आघातग्रस्त जाल्ल्यान रोजगार चालू दवरूंक शकना.

8) गुन्यांवकारांक दोशी थारायल्या उपरांत फौजदारी पात्र जखमांचें लुकसाण भरपाय मंडळा वरवीं ख्यास्त जाल्या काय ना हाचेर न्यायालयान लुकसाण भरपाय दिवची. गुरवारपणांत पिडेस्तांक जावपी दुख्ख, धपको, बाळंतपणान जावपी लुकसाण तसोच बाळंतपणाच्या खर्चाचो विचार मंडळ करतलें.

प्रकरणाच्या ह्या बाजूचेर विचार करतनाआमी ऑक्सफर्ड हॅंडबुक ऑफ क्रिमिनोलॉजी (1994 आवृत्ती) पानां 1237-38 वयल्याइंग्लंडांतले स्थीतीविशींच्या उताऱ्याचो संदर्भ घेवंक शकतात.

"गुन्यांवकारान फारीक करपा सारकी लुकसाण भरपाय फौजदारी न्याय अधिनेम 1972 हातूंत सादर जालो,जाणें दुखापत, हानी वा लुकसाण जाल्ल्या प्रकरणांत मुखेल दंडा वांगडाच लुकसाण भरपाये खातीर न्यायालयाक सहाय्यक आदेश दिवपाचो अधिकार दिलो. एकमेव दंड म्हणून लुकसाण भरपायेचो आदेश दिवप फौजदारी न्याय अधिनेम1982 क लागून पयलेच फावट शक्य जालें. तशेंच दंड आनी लुकसाण भरपाय एकठांय दिवपाच्या प्रकरणांत दंडा परस लुकसाण भरपाय फारीक करपाक चड प्राधान्य दिवप गरजेचें आशिल्लें. ह्या उदरगतींक लागून दंडशास्त्रीय विचारांत व्हड बदल जालो, जो पारंपारीक शिक्षेच्या चड बारीकसाणेन पुनर्वितरण उद्दिश्टां परस परतफेड आनी लुकसाण भरपाय हांकां जोडिल्लें वाडटें म्हत्व प्रतिबिंबीत करता. फौजदारी न्याय अधिनेम1988 त हो बदल फुडें व्हेलो. मरण, दुखापत, लुकसाण ह्या दरेका प्रकरणांत लुकसाण भरपाय आदेश दिवपाचो विचार न्यायालयाक करचो पडटलो, आनी जंय अशे तरेचो आदेश दिल्लो ना, थंय तशें करूंक नाशिल्ल्याचीं कारणां दिवप हें न्यायालयाचेर कर्तव्य लादप आवश्यक थारलें. ताणें लुकसाण भरपाये खातीर पात्र आशिल्ल्या दुखापतींची व्याप्तीपसून वाडयल्या. ह्या नव्या गरजांचो अर्थ असो आसा, की जर न्यायालय लुकसाण भरपायेचो आदेश दिवपाक अयशस्वी थारलें जाल्यार ताणें कारणां दिवचीं पडटलीं. जंय कारणां दितात, थंय फुडें पिडीत व्यक्ती हाचेर अर्ज करूंक शकता, जे न्यायीक नियाळाचेर अधीन आसतले....

फौजदारी न्याय अधिनेम1991 त खुबश्यो तरतुदी आसात ज्यो प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष लुकसाण भरपाये खातीर व्हड भुमिकेक प्रोत्साहन दितात”.

अधिनेमाच्या कलम 10 त अशें म्हणलां की, राष्ट्रीय बायलां आयोग सकयल दिल्लीं सगळीं खंयचींय कार्यां करतलोः

अ) संविधान आनी हेर कायद्याप्रमाणें बायलांक प्रदान केल्ले सुरक्षीतताये संबंदीत सगळ्या बाबींची वासपूस आनी तपासणी करप.

ब) बायलां आड जावपी भेदभाव आनी अत्याचारांतल्यान निर्माण जावपी विशिश्ट समस्या वा परिस्थिती विशीं खासा अभ्यास वा वासपूस करपाची मागणी करप आनी ते ना करपा खातीर धोरणांची शिफरस करपा खातीर मर्यादा सोदून काडप.

वयल्या तरतुदींचो विचार करून,दुर्दैवी पिडेस्तांचे त्रास कमी करपा खातीर,तिसऱ्या प्रतिवादीन अशे तरेची येवजण तयार करची पडटली.अशी येवजण हो निर्णय जाल्ल्या दिसा सावन 6 म्हयन्यां भितर तयार करची. भारत सरकारान तपासणी करची आनी बेगिनात बेगीन येवजणेची अंमलबजावणी करपा खातीर गरजेचीं पावलां उबारचीं.

वयल्या निर्देशांक अधीन रावनरीट याचिका निकालांत काडटात.

ए.जी. याचिका निकालांत काडली.

**अस्विकरण**

ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वयन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**